

मूल्यवर्धन
शांतिलाल मुथ्था फाउंडेशन

# विद्यार्थी उपक्रम पुस्तिका

## यत्ता : दुसरी

नांव : ........................................

शाळेचे नाव : ........................................

यत्ता : .................... तुकडी : ....................

शिक्षण संचालनालय, पर्वरी, गोंय सरकार

# मांडावळ

| | |
|---|---|
| म्हजें वळखपत्र | १ |
| आमची शाळा | १ |
| म्हजी तांक | २ |
| खोशी, दुखी, रागीश्ट | ३ |
| राजान कितें केलें? | ३ |
| शाळेचे नेम | ५ |
| घरांतले नेम | ६ |
| आमी शाळेंत कितें करतात? | ७ |
| भलायकेच्या बऱ्यो आनी वायट संवयो | ८ |
| भलायकेच्या बऱ्यो आनी वायट संवयो | ९ |
| अवगुणीराम गुणीराम जावपाचो यत्न करता | १० |
| बरे इश्ट कोण? | १२ |
| तांकां कितें दिसलें आसतलें? | १४ |
| गावपी कावऴो | १५ |
| आमी केन्नांय चळोवचे नात | १६ |
| देव बरें करूं इश्टा | १७ |
| जतनाय घेवपी चली | १८ |
| भारतांतल्या खेड्यांतलीं घरां | २० |
| चपाती भाजेचो संवाद | २१ |
| सहकार्याची काणी | २२ |
| आमी उदक कशें वापरपाक जाय? | २४ |
| आमी उदक कशें वाटोवपाक जाय? | २६ |
| भिंतीचित्रां रंगयात | २७ |
| म्हज्या संदर्भात | २८ |
| फावल्या वेळार करपाचे उपक्रम | २९ |

**निर्मिती आनी उजवाडावपी :**

संचालक, शिक्षण संचालनालय, पर्वरी, गोंय

संस्थापक, शांतिलाल मुथ्था फाउंडेशन, पुणे

**छापपी :**

© सगळे हक्क प्रकाशकांच्या स्वाधीन

**मुद्रण : जून २०१८**

**शिक्षकांखातीर टीप :**

ही पुस्तिका शिक्षक उपक्रम पुस्तिका यत्ता २ री या पुस्तिकेकडेन संबंदित आसा.

# ५. देव बरें करूं इश्टा

**व्याप्ती** सगळ्यांचो आदर करपाक जाय हें भुरग्यांनी समजप

**अध्ययन निश्पत्ती** सगळ्यांचो आदर करपाचें म्हत्व भुरगीं सांगतात.

**गरजेच्यो बाबी** विद्यार्थी उपक्रम पुस्तिका

**उपक्रम**

१. भुरग्यांक सांगचें : आयज आमी खरेंपणी घडिल्ली काणी आयकूंया.

२. विद्यार्थी उपक्रम पुस्तिकेतली 'देव बरें करूं इश्टा' ही काणी सांगची. काणी सांगतानाच भुरग्यांक ती वाचपाक सांगची. (पान नं. १७)

३. भुरग्यांक विचारचें : हे घडणुकेविशीं तुमकां कितें दिसता?

४. भुरग्यांक विचारचें :
   - डॉ. कलाम जे पद्धतीन पोलीस शिपायाकडेन उलयले तेविशीं तुमकां कितें दिसता?
   - त्या पोलिसाक कितें दिसलां आसतलें?

५. भुरग्यांक विचारचें : जेन्ना आमी एकामेकांकडे आदरान उलयतात तेन्ना ताचो परिणाम कितें जाता?

**अतिरिक्त उपक्रम**

१. 'आमी दर एकाचो आदर करूंया' हे घोशवाक्य मेणारंगान भुरग्यांक आपल्या चोपडेचेर बरोवपाक सांगचे. अक्षरां मोठी आनी ठसठशीत काडपाक सांगचें.

२. भुरग्यांक आपल्या जोडीदाराचे काम पळोवपाक सांगचें.

३. कांय जोड्यांक तांचे काम पुराय वर्गाक दाखोवपाक सांगचें.

४. दर एकाच्या कामाची तोखणाय करची.

# देव बरें करूं इश्टा

ही डॉ. अब्दुल कलाम हांच्या जिवितांत घडिल्ली खरी घडणूक. ते फामाद वैज्ञानिक आशिल्ले. इ.स. २००२ सावन २००७ ह्या काळांत ते भारताचे राष्ट्रपती आशिल्ले.

डॉ. कलामांक तरनाट्यांकडे खबरी मारपाक खूब आवडटाले. तांचे कडेन उलवपाखातीर ते कितल्याशाच कार्यावळीनी वांटो घेताले, आनी तांका उर्बा दिताले.

जुलय २०१५ त तांकां मेघालयाची राजधानी शिलाँग हांगा एके कार्यावळीक हाजीर रावपाचें आमंत्रण आशिल्ले. ते आसामातल्या गुवाहटीच्यान गाडयेन शिलाँग हांगा गेले.

डॉ. कलामांच्या सुरक्षतायेरखातीर तांचे गाडये मुखार एके उक्ते जिपितल्यान तीन पुलीस वताले. एक पुलीस शिपाय आर्म घेवन उबो आशिल्लो.



आपले गाडयेतल्यान डॉ. कलामान त्या पुलीस शिपायाक जिपित उबो आशिल्लो पळयलो. तांणी आपल्या वांगडा गाडयेंत आशिल्या लोकांक म्हणले, ''जिपितलो तो पुलीस आर्म घेवन उबो कित्याक रावला? तो जाम जातलो. उपकार करून ताका बसपाक सांगात.''

पूण त्या पुलीस शिपायाक गुवाहटी ते शिलाँग ह्या पुराय प्रवासाक उबे रावपाची ताकीद दिल्ली आशिल्ली.

शिलाँग पावल्या उपरांत डॉ. कलामान थंयच्या सायबाक सांगलें, ''म्हाका त्या जीपितल्या उबो आशिल्ल्या पुलीस शिपायाक मेळपाचे आसा.''

अँडरसन लापांग नांवाच्या त्या पुलिसाक आधिकाऱ्यान डॉ. कलाम हांचे कडेन व्हेले.

डॉ. कलामान लापागांचो हात हातांत घेतलो आनी म्हणलें, ''देव बरें करूं इश्टा! तुका खूब पुरो जाला आसतलें न्हय? तुका खावपाक बी कितें जाय? म्हजे खातीर तुका इतलो वेळ उबों रावचों पडलों हाचे म्हाका खूब वायट दिसता.''




शिक्षण संचालनालय, पर्वरी, गोंय सरकार